Akashwani panaji reg news 7.25 am 21st may 2026

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी अक्षता बोडके तुमका प्रादेशिक खबरो दिता.

सुभाष

म्हायती आनी तंत्रज्ञान खात्यान २१ आनी २२ मे अशें दोन दिस 'गोवा शॅकेथॉन' सर्त आयोजीत केल्या. नांवा प्रमाण ही कार्यावळ हॅकथॉन आनी गोंयच्या बीच रॉक्स हांचो मेळ आसा, जंय दर्यादेगेर बसून नवे विचार आनी प्रस्नाच्यो जापो तयार जातल्यो. संवसारभरांतल्या खाशेल्या सुवातींनी अभिनव विचार जल्माक येतात हे संकल्पनेचेर आदारीत हो दोन दिसांचो अणभव प्रशासकीय कामांक नवो आकार दितलो अशे म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री रोहन खवंटे हांणी सांगलें byteरोहन खवंटे )

Rashmi

गोंय पर्यटन खातें राज्यांतल्या एमआयसीई पर्यटनाक चालना दिवपा खातीर नोडल एजन्सी म्हूण एमआयसीई ब्युरो स्थापन करपाचे प्रक्रियेंत आसा अशें पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगलें. जागतीक अनिश्चिततायेचे फाटभुंयेर राज्यांच्या पर्यटन उद्देगा खातीर फुडें वचपाची वाट सोदून काडपा खातीर भागधारकांची बसके उपरांत ते मिडिया व्यक्तीं कडेन उलयताले. गोंयची एमआयसीई गंतव्य म्हूण सुवात सुगम करपा खातीर आनी ताका चालना दिवपा खातीर प्रस्तावीत ब्युरो सगल्या भागधारकांचो विचार करतलो अशें तांणी सांगलें.फुडल्या ६ म्हयन्याच्या पर्.टनाचो आराखडो कसो आसचो हे विंशी ईयज पर्यटन मळावेल्या जाळवणदारांकडे पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांच्य अध्यक्षतायेखाला बसका जाली. संवसारीक पांवड्यार आव्हानां अस्तित्वांत आसात, तातूंत झुजाच्या परिस्थिती सयत, परिणाम विमान कंपन्यांक जाला. अशें आसून लेगीत पर्यटकांचो बरो आंकडो अजूनय गोयांत येत आसा, गोंय हें एक पसंतीचें थळ उरलां अशी म्हायती मत्री खंवटे हांणी दिल्या.

रश्मी

केंद्रीय समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण राज्यमंत्री रामदास आठवले हांणी गोंयांतल्या दिव्यांजाना खातीर आनी अतिरिक्त वृद्धाश्रम आनी कल्याणकारी सुविधांक आदार दिवपाक केंद्र सरकार तयार आसा अशें सांगलां. सचिवालयांत पत्रकार परीशदेत उलयतना आठवले हांणी गोंय सरकाराच्या आदारान एनजीओन चलयल्लीं धा वृद्धाश्रमा बरी चलतात. अशे सांगले. मंत्रीमंडळाच्या म्हणण्या प्रमाण दरेका युनिटांत 25 जाणांक रावपाक मेळटा एनजीओ कडल्यान प्रस्ताव ऑनलायन सादर करूं येतात आनी पात्र प्रकल्पां खातीर अनुदान दिवपाक केंद्र सरकार तयार आसा अशें तांणी सांगलें. Byte ओल्ड एज

Rashmi

आर्ट ऑफ लिव्हींग संस्थेन तांच्या समर्थकांक मानसिक शांतीकाय तशेंच सकारात्मक प्रकाश दाखयला.तशएंच आध्यात्मिक मार्गदर्शन, प्रेम सेवा, तशएंच करुणा तशेचं आंतरीक शक्तीचो मार्ग दाखयला अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. आर्ट ऑफ लिव्हींग संस्था ४५ वे वर्स पुराय जाल्या फांटभुयेंर तशेंच आर्ट ऑफ लिव्हींगाचे संस्थापक श्री .श्री रवी शंकर हांच्या ७० व्य वाढदिसाच्या फांटभुयेंर आयोजित कार्यावळीत मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत उलयताले. ही कार्यावळ बंगळुरात जाली. मन शांत आसत जाल्यार , समाजात शांतकाय येता, समाजात शांतकीय येवप म्हणल्यार राष्ट्राची प्रगती जाता , आर्ट ऑफ लिव्हींग ची सेवा १८२ देशांनी आसा.

रश्मी

उत्तर गोंय  जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांच्य हस्तुकी गोंवा अमृतकुभ ह्या ब्रेण्डाच्य म्होवाचे अनावरण जाले.   मोव्हाक वेवसायिक माची दिवपाच्य हेतान हे उत्पादन तयार जाला.District mineral fund मोव्हाचे  मुस पोसवण करपाचे प्रशिक्षण, तशेंचहे खातीर लागपी वस्तु, तशेचं  मोव्ह काडपाच्य प्रक्रियेविंशी प्रशिक्षण दितात. नव्यान सुरू जाल्लो ब्रँड गोवा अमृतकुंभ हनी हे शंबर टक्के थळावव्या गोंयकारांनी तयार केल्ले उत्पादन.

Announcement – 30
आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या पदा खातीर तात्पुरत्या कराराचेर अर्ज मागयता. पदवीधर पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें बरें अणकार करपाचें कसब प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. निमणी तारीख आसा 1 जून

Weather
हवामान केंद्र, आल्तीनो पणजीन 20 मे ते 21 मे 2026 मेरेन गोंयात येल्लो अलर्ट जारी केला.

Sports

ipl क्रिकेट मॅचींत आयज गुजरात टायटन्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स पंगडा मदी अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत सांजवेळा 07:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोप्ल्यो. मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयज सांजे ७ वरा 20 मिनतानी आयकुंक मेल्तले. नमस्कार